Akashvani Panaji Goa National Bulletin 8.40am 11.06.24

HEADLINES:-

ओडिशा भाजप विधिमंडळ पक्षाचो फुडारी वेचून काडपाखातीर आज भुवनेश्वरात बसका जातली.

केंद्रीय मंत्रमंडळांन प्रधानमंत्री आवास येवजणे खाला तीन कोटी अतिरिक्त ग्रामीण आनी शारी घरां बांदपाच्या प्रस्तावाक मंजुरी दिल्या.

केंद्रान शेतकारांक वीस हजार कोटी रुपयाचो पीएम-किसान सम्मान निधीचो 17 वो हप्तो जरी केलो.

केंद्रान राज्यांक जून म्हयन्या खातीर एक लाख एकोणचाळीस कोटी रुपया वयर कर हस्तांतरणा जारी केला.

फुडले तीन चार दीस बिहार आनी उत्तर प्रदेशांत सामको कालोर जावपाची शिटकावणी हवामान खात्यान दिल्या.

REV. ODISHA BJP MEETING - 80

ओडिशा भाजप विधिमंडळ पक्षाचो फुडारी वेचून काडपाखातीर आज भुवनेश्वरात बसका जातली. हे खातीर केंद्रीय मंत्री राजनाथ सिंग आनी भूपेंद्र यादव हांची केंद्रीय निरिक्षक म्हणून नेमणूक केल्या. भारतीय जनता पक्षाच्या फुडारपणा

खाला ओडिशांतलें नवें सरकार फाल्यां पदभार स्वीकारतले. हालींच जाल्ले वेंचणुकेंत भारतीय जनता पक्षान 147 वांगडी राज्य विधानसभेत 78 सुवाती मेळोवन पूर्ण भोवमत मेळयल्या. ओडिशाचे नवनिर्वाचित भाजप आमदारांची आज दनपरा भुवनेश्वरात पक्षाच्या मुख्यालयात राज्याचो फुडलो मुख्यमंत्री वेचून काडपाखातीर बसका जातली. भाजपाचो पयलो मुख्यमंत्री आनी मंत्रीमंडळ फाल्यां सांजवेळा भुवनेश्वरात जनता मैदानाचेर सोपूत घेवपाचे आसात.

REV. ODISHA BJP MEETING - 80

ओडिशा भाजप विधिमंडळ पक्षाचो फुडारी वेचून काडपाखातीर आज भुवनेश्वरात बसका जातली. हे खातीर केंद्रीय मंत्री राजनाथ सिंग आनी भूपेंद्र यादव हांची केंद्रीय निरिक्षक म्हणून नेमणूक केल्या. भारतीय जनता पक्षाच्या फुडारपणा खाला ओडिशांतलें नवें सरकार फाल्यां पदभार स्वीकारतले. हालींच जाल्ले वेंचणुकेंत भारतीय जनता पक्षान 147 वांगडी राज्य विधानसभेत 78 सुवाती मेळोवन पूर्ण भोवमत मेळयल्या. ओडिशाचे नवनिर्वाचित भाजप आमदारांची आज दनपरा भुवनेश्वरात पक्षाच्या मुख्यालयात राज्याचो फुडलो मुख्यमंत्री वेचून काडपाखातीर बसका जातली. भाजपाचो पयलो मुख्यमंत्री आनी मंत्रीमंडळ फाल्यां सांजवेळा भुवनेश्वरात जनता मैदानाचेर सोपूत घेवपाचे आसात.

STORY

केंद्र सरकारान जून म्हयन्या खातीर राज्यांक एक लाख 39 हजार कोटी रुपया वयर कर हस्तांतरण जारी केला. हे रक्कमेक लागून काल राज्य सरकारांक उदरगतिक आनी भांडवल खर्चाक गती मेळटली दिलपाक जाला अर्थ अर्थ मंत्रालयान सांगला उत्तर प्रदेशाक सगळ्यांत चड 25 वपर हजार कोटीं,, बिहाराक 14 हजार कोटी, मध्य प्रदेशाक सुमार 11 हजार कोटी, आनी अस्तंत बंगालाक 10

हजार पांचशें कोटी परस चड पयशे मेळ्ळयात. ह्या हप्त्या वरवीं केंद्रान अंदूं 10 जून मेरेन राज्यांक दोन लाख 79 हजार कोटी रुपया वयर हस्तांतरीत केल्यात. 2024-25 य वर्साच्या अंतरिम अर्थसंकल्पात राज्यांक कर हस्तांतरण रकमेखाला 12 लाख 19 हजार 783 कोटी रुपयांची तरतूद आसा.

NEET-80

NTA durrehm नॅशनल टेस्टिंग एजन्सी-एनटीएचे महासंचालक सुबोध कुमार सिंग हाणी देशभरातल्या वैद्यकीय प्रवेश परीक्षा- NEET उमेदवारांक आश्वासन दिला की स परिक्षा केंद्रांतल्या 1563 उमेदवारांच्या निकालाचो परतून पूरक गूण नियाळाक लागून तांच्या रँकिंगचेर परिणाम परिणाम जावचो ना. आकाशवाणी कडेन उलयतना नॅशनल टेस्टिंग एजन्सीच्या महासंचालकांनी सांगलें, ह्या प्रकरणाची चवकशी करपा खातीर स्थापन केल्ली चार वांगड्यांची उच्च पांवड्यावेली समिती एका सप्तकांत आपलो अहवाल सादर करतली. समितीच्या अहवालाच्या आदाराचेर अंतिम निर्णय घेतले अशें तांणी सांगलें. ह्या निर्णयाक लागून प्रवेश प्रक्रियेंत आडमेळीं येवची ना अशें तांणी उमेदवारांक आश्वासन दिलें.

RSS-80

स्वस्थ लोकशाये खातीर सत्ताधारी पक्ष आनी विरोधी पक्ष दोनूय तितलेच म्हत्वाचे आसात अशे राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाचे सरसंघचालक डॉ. मोहन भागवत हांणी काल सांगलें. राजकारण सहमतीन चलपाक जाय. डॉ भागवत काल नागपूरच्या रेसिम्बाग हांगा संघ शिक्षण वर्ग आनी कामगार उदरगत कार्यावळीच्या समारोप सुवाळ्यात उलयताले. देशांत विविधतायेचें म्हत्व सांगून तांणी म्हणलें, विविधतायेंत एकवट ही आमची वळख. आमी परस्पर धर्मीक

भावनांचो आदर करपाक जाय. राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाच्या अविन स्वयंसेवकांखातीर मे महिन्यापासून सुरू जालल्या एक महिन्याच्या प्रशिक्षण कार्यक्रमाची काल देशभरातल्या 900 हून अधिक स्वयंसेवकांच्या सहभागान सांगता झाली.

IMD-WEATHER - 90

फुडले तीन चार दीस बिहार आनी उत्तर प्रदेशांत सँको कालोर जावपाची शिटकावणी हवामान खात्यान दिल्या. फुडल्या पांच दिसांत जम्मू विभाग, पंजाब, हिमाचल प्रदेश, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, राजस्थान, झारखंड आनी ओडिशा ह्या कांय वाठारांनी कालोराच्या ल्हारांची परिस्थिती पातळपाची शक्यताय आसा. फुडल्या दोन दिसांत नैऋत्य मान्सून उत्तर अरबी दर्या, गुजरात आनी महाराष्ट्रांतल्या चडशा वाठारांनी फुडें सरपाक परिस्थिती अनुकूल आसा. फुडले चार-पांच दीस कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र आनी कर्नाटकांत घोग्यांनी पावस, गडगड आनी वीज पडपाची शक्यताय आशिल्ल्यान हवामान खात्यान ऑरेंज अलर्ट जारी केला. दक्षिण भारतांतल्या चडशा वाठारांनीय अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.

football Ind Vs Qatar (100)

फुटबॉलांत, आयज दोहात जावपी फिफा संवसारीक करंड 2026 AFC पात्रताय सर्तीच्या दुसऱ्या फेरयेच्या खेळांत भारताचो पंगड सध्याचो आशियाई वस्ताद कतार आड खेळटलो. खेळ भारतीय प्रमाणवेळेनुसार रातचे सव्वा णव वरांचेर सुरु जातली. पात्रताय सर्तीच्या तिसऱ्या फेरयेंत सुवात मेळोवपा खातीर भारतान अ गटांतल्या पयल्या दोन सुवाती मदली एक सुवात मेळोवची पडटली. संवसारीक

करंड 2026 AFC पात्रताय सर्तीच्या तिसऱ्या फेरयेंत वचपी पंगड आपोआप साउदी अरेबियांत जावपी एएफसी आशियाई करंड 2027 खातीर पात्र थारतले.

सध्याच्या गट अ गुणतकट्यार कतार 13 गूण घेवन पयले सुवातेर आसा आनी फुडल्या फेरयेंत आपली सुवात निश्चित केल्या. सध्या भारत पांच खेळांनी पांच गूण मेळोवन दुसरे सुवातेर आसा.

Cricket-80

आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 विश्वचषक क्रिकेट सर्तीत दक्षिण आफ्रिकेन बांगलादेशाक चार धांवड्यांनी हारयल्या. अमेरिकेतल्या न्यूयॉर्कातल्या नासाऊ काउंटी आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत पयली फलंदाजी करपी दक्षिण आफ्रिकेन निर्धारित 20 ओव्हरींनी स विकेटीं वगडावन 113 धांवड्यो केल्यो. ताका जाप दितना बांगलादेश पंगडाक 20 ओव्हरींनी 7 विकेटी वगडावन फक्त 109 धांवड्यो करप शक्य जाले.

दक्षिण आफ्रिके खातीर हेनरीक क्लासेन हाणें 44 बॉलांनी 46 धांवड्यो केल्यो. जाल्यार बांगलादेशा खातीर तंझिम हसन शाकिबान तीन विकेटी घेतल्यो.

आयज न्यूयॉर्कातल्या नासाऊ काउंटी आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत पाकिस्तान कॅनडा आड खेळटलो.